**3 जून दिसा संवसारीक उदक आनी पर्यावरण दीस**

ता. 1 जून 2022

भारतीय उदका कार्य संघटना आनी भौशीक कार्य विभाग हांच्या जोड पालवान 3 जून 2022 दिसा संवसारीक उदक आनी पर्यावरण दीस मनोवपात येतलो. आल्तिन पणजी हांगा भौशीक बांदकाम खात्याच्या सभाघरांत सांजेच्या 4.30 वरांचेर आयोजीत कार्यक्रमाक पर्यावरण आनी भौशीक बांदकाममंत्री श्री. निलेश काब्राल मुखेल सोयरे आसतले.

भारतीय उदका कार्य संघटनेच्या गोंय शाखेचे सुमार 250 वांगडी आसून तांतूत भौशीक बांदकाम खाते, उदकास्त्रोत खाते, सिव्हरेज म्हामंडळाचे अभियंतें, हेर तज्ञ आनी उद्देगीक वेवसायिकांचो आस्पाव आसा.

सांगली जिल्ह्यातल्या अग्राणी न्हंयक पुनर्जीवन दिवपाच्या कार्याखातीर राष्ट्रीय पुरस्कार फावो जाल्ले श्री. विलास चौथाई हे कार्यक्रमाचे मुखेल उलोवपी आसतले.

ह्या वेळार कोवीड म्हामारी आनी पुराच्या काळांत लोकांक उदका पुरवण करपा खातीर बरे काम केल्ल्या कर्मचाऱ्यांचो सत्कार जातलो.

भौशीक बांदकाम खात्याचे प्रधान मुख्य अभियंते श्री. उत्तम पार्सेकर हेवूय कार्यक्रमाक उपस्थित आसतले.

संघटनेचे अध्यक्ष श्री. विरकुमार सावंत आनी सचीव श्री. सत्येश कोकोडकर हांणी अभियंते आनी उदका सांबाळ करपाचे काम करपी प्रतिनिधीक ह्या कार्यक्रमाक उपस्थित रावपाची विनंती केल्या.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/390

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji